<u>Panaji Regional</u>

21 April 2026 7.20 PM

- पुराय गोंय तशेच महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्यात फामाद आशिल्ली शिरगावची जात्रा आयजसावन व्हड उमेदीन सुरू जाल्या.
- भारतीय जनता पार्टी महिला मोर्चान आयज पणजेच्या भाजप मुख्यालय ते काॅंग्रेस भवनामेरेन जन आक्रोश महीला पदयात्रा काडून नारी शक्ती वन्दन विधेयकाक विरोध केल्ले खितीर काॅंग्रेस तशेच india alliance partners पक्षांचो निशेध केलो.
- सरकारन 2023 वर्साचें बायलांचें आरक्षण विधेयकाची बेगोबेग अंमलबजावणी करची अशी मागणी विरोधकांनी केल्या.
- भारतीय हवामान खात्यान 20 ते 23 एप्रील ह्या काळांत राज्यांत पावस पडपाची शक्यताय व्यक्त केला

<u>Rajesh Vazkrikar (Lairai Jatra) -229</u>

पुराय गोंय तशेच महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्यात फामाद आशिल्ली शिरगावची जात्रा आयजसावन व्हड उमेदीन सुरू जाल्या. भाविक आयज मंगळारा 21 एप्रिल ते शनिवार 26 एप्रिल 2026 हे पाच दिस ही शिरगावची जात्रा वडा उमेदिन आणि भक्ती भावान मनातले. हे निमतान आयज सकाळसावन देवीच्या धोंडानी तशेच भक्तगणांनी देवळात येवन देवीचे दर्शन घेतले. जात्रा सुरळीत जावची हे खातिर शिरगाव देवस्थान समिती तशेच सरकारी प्रशासनान खूप तयारी केल्या.

शिरगाव जात्रेच्या निमतान सुमार 1000 पोलीस आनी 400 होमगार्ड हांची व्यवस्था केल्ली आसा. देवीचे आदिस्थान ते मंदिर वाठारात शंभर सीसीटीव्ही कॅमेरा बसयल्यात. जिल्होधिकारी ,दिवचल मामलेदार, दिवचल उपजिल्होधिकारी जात्रेच्या बंदोबस्ताखातीर शिरगावान हाजीर रावल्यात. देवीची जत्रा भक्तिभावान आणि कसल्याच अडचणी शिवाय संपन्न जावची हेखातीर पोलीस प्रशासन ,उजो पालोवपी दळ, येरादारी खातें ,भलायकी खातें, उदकापूरवण खाते , शिरगांव पंचायत तशेच हेर सगळी सरकारी यंत्रणा सज्ज आसात . धोणांक तशेच देवीच्या भक्तांक व्यवस्थित दर्शन मेळचें हे खातिर नियोजन बद्ध व्यवस्था केल्या. इतले

मजगतीं  मोठ्या उमेदीन आणि भक्ती भावान आयज  दनपारां देवीची चिरा वाजत गाजत मुड्डेर आशिलल्या देवीच्या अधिस्थानार व्हरपांत आयली.  ह्या वेळार "श्री लहराई माता की जय" या जयघोशांनी वातावरण भरलें . सकाळी गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत,भलायकीमंत्री विश्वजीत राणे तशेच सामाजिक फुढाऱ्यांनी  शिरगाव देवीच्या देवळान येऊन देवीचे दर्शन घेतलें. फाल्यां  22 तारखेक  फांतोडेर देवीचे अग्निदिव्य जातले, उपरांत चार दिस मळ्यार शेनवार २६ एप्रिल मेरेन देवीची कौलां जातलीं आनी शेनवारा रातीं  देवी परत मंदिरात वाचपाचो  सुवाळो जातलो.

Rashmi (BJP Mahila Morcha) - 85

भारतीय जनता पार्टी महिला मोर्चान आयज पणजेच्या भाजप मुख्यालय ते काॅग्रेस भवनामेरेन जन आक्रोश महीला पदयात्रा काडून नारी शक्ती वन्दन विधेयकाक विरोध केल्ले खितीर काॅग्रेस तशेच  india alliance partners पक्षांचो निशेध केलो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ,भाजप गोंय प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक ,भाजपाची फुडारी सुलक्षणा सावंत, महीला मोर्चा अध्यक्षा सुवर्णा तेंडुलकार, आमदार देविया राणे, डीलायला लोबो, तशेंच भाजप महीला मोर्चाच्यो वांगडी हाजीर आशिल्लो.

हे वेळार उलोवप करताना काॅगेस आनी india alliance हे बायला विरोधी आसात असो आरोप करीत भाजपाची फुडारी सुलक्षणा सावंत हाणी म्हटलें.... (Byte)

Rashmi (Goa Congress) - 71

2023 वर्साचें बायलांचें आरक्षण विधेयक राज्यसभेंत संमत जालें हें सगळ्यांक खबर आसा. सध्याच्या 543 जाग्यां भितर ताची बेगोबेग अंमलबजावणी करची अशी मागणी विरोधकांनी केल्या. तशेंच सरकारन हें विधेयक मुखार हाडल्यार सगळ्या विरोधी पक्षांक तेंको दितले अशें सांगून हें विधेयक संसदेंत कित्याक मांडना असो प्रस्न काॅग्रेस गोंय प्रभारी अंजली निंबाळकार हांणी पणजे कॉंग्रेस भावनान घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार केलो. जनगणनेच्या आदाराचेर बायलांचें आरक्षण चालीक लावचें अशे गोय कांग्रेस प्रभारी अंजली निंबळकर हांणी म्हणला. (Byte)

Rashmi (Mandrem Health Checkup) - 160

मांद्रेचे आमदार हांच्या 45व्या वाडदिसाच्या निमतान  उदरगत  मांद्रे संस्थेवतीन 28 एप्रिलाक व्हड भलायकी तपासणी शिबिराचें आयोजन सकाळी 8 वरांचेर केलां. हे शिबीर पुरायपणान फुकट आसतलें. केएलईएस डॉ प्रभाकर कोरे  हॉस्पिटल, मेडिकल रिसर्च सेंटर, गोंय मेडिकल कॉलेज (जीएमसी), आनी भलायकी सेवा संचालनालय (डीएचएस) हांच्या जोडपालवान हे शिबीर जातले. या शिबिराची नोंदणी प्रक्रिया सकाळीं 7:30 वरांचेर सुरू जातली. जाल्यार हे शिबीर तुये हांगच्या सरकारी हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्र हांगा जातले.

हे शिबीरावरवी अवयव प्रत्यारोपण, कॅन्सर तपासणी, काळीज आनी मेंदू संबंदीत उपचार, गोडेंमूताचे दुयेस, छाती आनी श्वसन रोग, लॅपरोस्कोपीक, मूत्रविज्ञान आनी नेफ्रोलॉजी, आर्थोपेडिक्स, कान, नाक, आनी गळो, दांत दोळ्यांची तपासणी जातली. तशेंच त्वचारोग, कॅन्सर, प्रसूती आनी स्त्रीरोग, बालरोग, बीपी, ईसीजी, इको, आनी रगत साकर चांचणी फुकट दंत तपासणी जातली तशेंच वखदांचे फुकट वांटप जातले.

शिबीरात वाटो घेवपी मांद्रेवासियांनी दीनदयाळ स्वस्थ सेवा येवजण, महात्मा ज्योतिराव फुले जन आरोग्य येवजण कार्ड हाडप गरजेचे आसा.हे शिवाय आधार कार्डाची वा रेशन कार्डाची फोटोकॉपी हाडून दिवची, उपचाराक येतना तोणाक मास्क घालचे अशे आयोजकांनी कळीत केला.

Prasad Pai ( Khandola Temple) - 117

खांडोळा हांगच्या श्री शांतादुर्गा देवस्थान पंचायतन देवळांतल्या श्री दुर्गा देवी (श्री नावदुर्गा) देवळामुखार संरक्षण भिंत आनी रंगमंच बांधकामाची सुरवात आमदार गोविंद गावडे हांच्या हस्तुकी श्रीफळ वाडोवन जाली. देवूळ हें एकचाराचें प्रतीक आनी हांगा वेगवेगळे धार्मिक, सांस्कृतिक तशेंच सामाजिक कार्यक्रम सातत्यान आयोजीत करतात, अशें आमदार गावडे हांणी ह्या वेळार सांगलें.देवळांत जावपी कार्यक्रमांक योग्य सुविधा मेळच्यो आनी देवस्थान परिसर सुशोभित जावचो, देखून संरक्षण भिंत आनी रंगमंच उबारपाचो निर्णय घेतला, अशें गावडे हांणी म्हटलें.

Weather - 162

भारतीय हवामान खात्यान 20 ते 23 एप्रील ह्या काळांत राज्यांत पावस पडपाची शक्यताय व्यक्त केला, तशेच राज्यात सध्या गरमेचे दिस सुरू जाल्ले आसून लोकांनी, खास करून जाण्टे आनी भुरग्यांनी गरमेच्या उबाळापासून त्रास जावचे न्हय म्हूण काळजी घेवपाचो सल्लो भलायकी सेवा खात्यान दिला. उश्णतायेच्या खरसाणेक लागून हिट स्ट्रोक येवप तशेंच हेर त्रास जावपाची शक्यता आसता.

गरमेच्या उबाळापासून बचाव करपा खातीर हलक्या वजनाचे, हलक्या रंगाचे आनी सदळ कपडे घालचे. घरात आनी खास करून रांदपाचे कुडींत हवा खेळटी उरपा खातीर दारां आनी जनेलां उकती दवरची. दनपाराच्या भारार जनेलांक कर्टन, कपडो वा बॅडशीट लावचे. डिहायड्रेशन टाळपा खातीर भरपूर  उदक, फळांचो ज्युस, ताक, लस्सी, वा हेर पातळ द्रव्यां पिवची. वताक वा गरमेच्या वातावरणात शारिरीक त्रासाचे चड काम करपाचे टाळचे.

<u>DD Opening- 119</u>

पणजेच्या दूरदर्शन केंद्राच्या प्रादेशिक खबरां विभागांतल्या पॅनेला खातीर निवडप्रक्रिया सुरु जालया. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तनिवेदक आनी सीजी संचालक या तीन  पदांखातीर अर्ज मागयल्यात.

संपादकीय सहाय्यकाची पीराय २५-५० वर्सांभितर असत गरजेचें असा. तशेंच मान्यताय मेळिल्ल्या विद्यापिठाची पत्रकारितेंत पदवी/डिप्लोमासयत ३ वर्सांचो अणभव गरजेचो असा.

वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर अर्ज करपी उमेदवाराची पीराय २५-५० वर्सांभितर सपक जाय. अर्ज करपी मनशालागी पदवी तशेच कोंकणी भाषेचे ज्ञान असत गरजेचें असा.

सीजी संचालक या पदाखातीर अर्ज करपी  उमेदवाराची पीराय २१-५० आसपाक जाय. उमेदवाराचे शिक्षण १२ मेरेन असून ताका कम्प्युटरचे ज्ञान आसपाक जाय.
जल्यार निमण्या वेब असिस्टंट या पदाखातीर अर्ज करपी अर्जदाराची पीराय २१ - ५० वर्स आसची. पत्रकारितेने पदवी तशेंच दृश्य-श्रव्य माध्यमांचो अणभव, नव्या

माध्यम पद्दतींचो अणभव गरजेचो थारतालो. या पदांखातीर अर्ज करपाची निमाणी तारीख ३० एप्रिल २०२६ असा.

Sports- 35

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांर सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स या पंगडामदी सांनो जातालो. काल अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले सामन्यान मुंबय इंडियन्सान गुजरात टायटन्साक 99 धांवड्यांनी हारयलो.